## भुरग्याक पवित्र पुस्तक

सादर करपी

# जेजून बारा मदतगार वेंचून काडटा




बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- Byron Unger; Lazarus Alastair Paterson

बानून घेवपी :- E. Frischbutter; Sarah S.

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस



सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org



©2024 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.


देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.



जेजून अद्भुत काम केलें. ताणें रोग बरे केले, त्रासांत पडल्ल्या लोकांक तांच्या काळजांत आनी मनांत शांती दिली, आनी देवाचें उतर शिकयलें.




लोक जेजू कडेन आदार आनी बरे जावपा खातीर आयले. ताणें आपल्या जायत्या अनुयायां मदल्यान बारा मनशांक वेंचून काडपाचें थारायलें, देवा खातीर ताच्या वावरांत ताका आदार करपाक.
3
तुमकां म्हत्वाचीं निवडणूकां करूंक जाय जाल्यार तुमी देवा कडेन मागणें करतात? जेजून केलें! एका शांत दोंगराचेर तो आपल्या सर्गींच्या बापा कडेन उलयलो. सुर्याचो अस्त जायसर जेजून मागणें केलें.
4
जेजून काळोख आनी लांब रातभर मागणें केलें.
5
सकाळीं जेजून आपल्या अनुयायांक आपयले – ताची सेवा करपी आनी ताचें उतर पाळपी सगळ्या इश्टांक. तातूंतल्यान ताणें बारा जाणांक खाशेले आदार वा प्रेषित जावंक वेंचून काडले.
6
जेजून वेंचून काडलेले पयले दोन भाव, सायमन पेद्रू आनी आंद्रेय. जेजून तांकां पयलेच खेपे आपल्या फाटल्यान वचपाक आपयले तेन्ना तांणी आपलो नुस्तें मारपाचो वेवसाय सोडून दिल्लो.
7
जेबेदीचे पूत जाकोब आनी जुांव, तांणीय आपल्यो नुस्तें मारपाचीं जाळीं सोडून गेल्ले.
8


जेजून फिलीप, बार्तोलेमी, मातेव, थॉमस, सायमन हो
जिलोट, आल्फेयसाचो पूत जाकोब, जाकोबाचो भाव जुदास
आनी उपरांत जेजूचो दुस्मान जाल्लो
जुदास इस्करियोत हांकांय
वेंचून काडले.
9


जेजून शिकयलें की आपूण
सांगता तें करप म्हणल्यार
घट्ट बुन्यादीचेर घर बांदपा
सारकें. खर वादळां तें घर
नश्ट करचें ना.
10


पूण जेजूचें उतर पाळूंक ना हें रेंवट बुन्यादीचेर
घर बांदपा सारकें. वादळ येतकच घर पडटलें.
11


जेजूचीं कांय आदन्या सोपीं नाशिल्लीं. “कोण तुज्या उजव्या
गालाक थापट मारलो जाल्यार तुज्या दाव्या गालाकय अर्पण
करात” अशें ताणें शिकयलें. “तुमच्या
दुस्मानांचो मोग कर.” जेजू सारके
जियेवंक लोकांक देवाचो
आदार जाय.
12


जेजून लोकांक गुप्तपणान मागणें
करुंकय सांगलें – कांय धर्मगुरूंनी
केल्ल्या प्रमाणें मनशां मुखार
मागणें दाखोवंक न्हय.
13


जेजून सांगलें की देव आपल्याचेर
विस्वास दवरपी लोकांक पोसतलो
आनी कपडे दितलो. देव सुकण्यांक
अन्न आनी फुलांक आनी झोंपांक सोबीत
रंग दिता देखून ताच्या लोकांक सगळ्या
गरजे खातीर ताचेर विस्वास
दवरूं येता.
14

जेजून त्या दिसा आपल्या नव्यान वेंचून काडिल्ल्या मदतगारांक जायतीं गजाली शिकयल्यो. तो सोंपतकच, एक कुश्ठरोगी आयलो, आनी ताणें ताका बरे करपाची विनवणी जेजूक केली.



15

जेजून कुश्ठरोग्याक जाप दिली, “हांव करतलों, निवळ जा.” सहाय्यक पळयतना, कुश्ठरोगी निरोगी जालो. तो बरो जालो! फकत देवाचो पूतच तशें करूंक शकतालो. तांकां एक अद्भुत धनी आसा हें मदतगारांक कळळें.



16

जेजून बारा मदतगार वेंचून काडटा

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

मॅथ्यू ४-७, मार्क १, लुकास ६

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130

17

शेवट

39 60

18

हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरर्सार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात! जुांव 3:16

19